# रेईश-मागूश वाठारात रस्त्याचे हॉटमिक्स

ता.23 एप्रिल 2018
03 वैशाख 1940

गृहनिर्माणमंत्री श्री. जयेश साळगांवकर हांणी आयज रेईश मागूश वाठारातल्या विद्या एन्क्लेव्ह कॉलनीकडेन वचपी 2.5 कि. मी. रस्त्याच्या हॉटमिक्स कामाची सूरवात केली. तशेंच तांणी विद्या एन्क्लेव्ह रेजिडन्ट असोसिएनच्या (व्हेरा) लोगोचेय अनावरण केले.

व्हेरा कॉलनीकडेन वचपी 2.5 कि.मी. रस्त्याचे हॉटमिक्स डांबरीकरण 72 लाख रूपये खर्च करपात येता. कॉलनीतले वांगडी आनी खास करून संघटनेचे अध्यक्ष श्री. यतिंद्र मराळकर हांच्या प्रयत्नांक लागून रस्त्याच्या हॉटमिक्स कामाक गती मेळ्ळ्या.

व्हेरा प्रकल्पात पार्क विकसीत करपाच्या कामाक रोखडीच सूरूवात जातली. तशेंच रस्त्याक स्ट्रीट लायटीय घालतले, अशें मंत्र्यान सांगले.